## भुरगीं

घरांत बेबक्यो येतात
घरांत मांजराचो पेटो हागोन दवरता
सदांच बायल वाजेता
जीवाक

बेबक्या फाटल्यान सोरोप येंव येता
हो भंय तिका
मांजराचो पेटो एक खालो शेजारच्या सुण्यान
म्हणून हांव जपता दुसऱ्याक
पुणून बायल वाजेता- जीवाक
तेका पैस सोडून दिवपाक सोदता
कारण तो तिचो पेटो न्हू
कितली स्वार्थी !

बेबक्यांक आनी मांजरा पेट्याक पळोवन
भुरग्यांचे मनरंजन
म्हजें सप्नरंजन
बायलेचे मात नाईटमेअर

बायलेच्या सपनांत
तिका न जाल्ली भुरगीं येतात

**- काशिनाथ शांबा लोलयेकार**

## वीख

भिन भिन भिनभिनलें
हिरण्यकीर्ण तनमनां
लव ॲट फर्स्ट सायट
उजवाड उजवाड धांय दिकां
आनी वीख
रुवां रुवां

वीख जांव प्याल्यांतलें
सोक्रेतीस वा मीरेल्या
वीख जांव कालियालें
नीलकंठातल्या वा कंठातलें
भिनलें भितर तेन्नाच ताचें
अमृत जालें ! अमृत जालें !!

**- बाळकृष्णजी कानोळकार**

' महान माणसांचं महान कार्य त्यांच्यानंतरही चालू ठेवून प्रकाश देण्याचं कार्य करणं हीच त्या महात्म्यांना खरी श्रद्धांजली. '

**महात्माजी, शास्त्रीजी** व **सरदारजी** यांच्या जयंती निमित्य आणि **इंदिराजीं** च्या पुण्यतिथी निमित्य

**'अपरांतक परिवार'** त्यांच्या कार्याप्रती स्वत:ला वचनबद्ध करीत आहे.

आमचे लेखक, वाचक, जाहिरातदार, व हितचिंतक यांना अपरांतक परिवाराच्या दिपावली निमित्य हार्दिक शुभेच्छा.

नवे वर्ष आपणा सर्वांस
सुखसमृद्धीचे जावो !